# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जोशूवा अधिकार घेता



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

मोयजेस मेलो. जोशूवाक कळ्ळें की
देवान आतां ताका इज्रायल लोकांक
फुडाकार घेवंक वेंचून काडला.
जोशूवान आपलें सैन्य तयार करचे
पयलीं ताका स्वताक तयार करचें
पडलें. देवान जोशूवाक वचन
दिल्ल्या देशांत जैत आनी
योग्यताय मेळटली
अशें उतर दिलें, लोक
सदांच देवाच्या
उतराक पाळो दितले
जाल्यार.



इज्रायल लोकांनी जोशूवाच्या फाटल्यान
वचपाचें आनी सदांच देवाचें उतर



पाळपाचें उतर
दिलें. बुद्धीन नव्या
फुडाऱ्यान कनानांत
गुप्तचर धाडून
जेरिकोच्या व्हड
शाराच्या संरक्षणाचो
अभ्यास केलो.
इझ्राएलाचें पयलें
झूज थंयच जातलें.



कोणे तरी जेरिकोच्या राजाक सांगलें, शारांत गुप्तचर आसात. तांकां सोदपाखातीर ताणें आपले सैनिक धाडले. राहाबाच्या घरांत सोद सुरू जालो, थंय ते दादले रावताले. सैनिकांनी तिच्या दारांत खरखरीत धपको दिलो. रोखडेंच राहाबान त्या मनशांक कांय तागाच्या सकयल लिपोवन दवरले.

सैनिक गेले तेन्ना राहाबान
तांबड्या रंगाची दोरी
वापरून शाराच्या वण्टी
भायर सुरक्षीतपणान
दादल्यांक सकयल देंवयले.
तिणें गुप्तचरांक कित्याक
आदार केलो? कारण
तिका खबर आशिल्लें देव
तांचे वांगडा आसा. देवान
तिचो जीव वाचवचो अशें
तिका दिसतालें. गुप्तचरांनी
राहाब आनी तिच्या कुटुंबाक
वाचवपाचें उतर दिलें.



जेरिकोक पावचे आदीं इज्रायल लोकांक जॉर्डन न्हंय पार करून कनान, वचन दिल्ल्या देशांत वचचें पडलें. पूण पूल नाशिल्लो! लोक कशे पार करतले?



देवान जोशूवाक सांगलें की याजकांनी, धा आदन्या दवरल्ली आर्क व्हरून, सैनिक आनी लोकां पयले फुडाकार घेवंक जाय, याजकांचे पांय न्हंयचे कांठाक लागले तेन्ना देवान एक चमत्कार केलो. देवान उदकांतल्यान एक सुको मार्ग तयार केलो.



सगळे लोक सुरक्षीतपणान पार जाले उपरांत, तांणी न्हंयच्या पात्रांत बारा व्हडले फातर आनी कनानाच्या न्हंयचे देगेर आनीक बारा फातर दवरले. लोकांक आपल्या भुरग्यांक देवाच्या व्हड बळग्या विशीं आनी मोगा विशीं शिकवपाक हीं यादीं आशिल्लीं.





जेरीकोक घटमूट, दाट वण्टी आशिल्ल्यो. जोशूवान आपलो हल्लो करपाची येवजण करताना, देवान आपल्या सैन्याचो कॅप्टन सर्गा थावन धाडलो, इज्रायलाच्या नव्या फुडाऱ्याक देव आपल्या लोकां खातीर झुजां जिखता हाची याद करून दिवपाक.



देवान जोशूवाक जेरीकोचेर कसो हल्लो करचो तें सांगलें. ती एक सामकी विचित्र येवजण आशिल्ली. देवाच्या लोकांक स दीस, दिसाक एक फावट शाराक भोंवतणीं भोंवचें पडटलें आनी सातव्या दिसा, सात फावटीं भोंवचें पडटलें. मागीर तांणी तुरही वाजोवन बोवाळ करपाचे आशिल्ले आनी शाराच्यो वण्टी सपाट पडटल्यो!

जोशूवा आनी ताच्या सैन्यान देवान सांगिल्लें
तशें केलें. घडये जेरिकोचे लोक तांकां हांसले.
पूण, सातव्या मोर्चा उपरांत सातव्या दिसा
याजकान मेढराचो शिंग वाजयलो. आनी जशें





देवान उतर दिल्लें ...
जेरिकोचीं व्हड
वण्टीं कसळ्ळीं!




फकत वण्टींतलें राहाबाचें
घर सुरक्षीत आशिल्लें. तिणें जनेला वयल्यान लटकत आशिल्ली तांबड्या रंगाची दोरी सोडून दिल्ली. रोखडेंच जोशूवाच्या मनशांनी राहाब आनी तिच्या कुटुंबाक सोडयले. मागीर देवान सांगिल्ले प्रमाण जेरिकोचो नाश जालो.



गंभीरतायेन जोशूवान जेरिकोचें भांगर,

रुपें आनी खजिनो देवाचे सेवे
खातीर समर्पित केलें. मागीर दुश्ट शार परतून
बांदपी कोणाचेरूय ताणें शाप घालो. रोखडेंच
कनानांतल्या सगळ्यांनी आयकलें की जोशूवान
जेरिकोक कसो हारयलो. देव आपल्या लोकां
वांगडा आसा हें तांकां खबर आशिल्लें.

# जोशूवा अधिकार घेता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

जोशू १-६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरसार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16